
# बूथ स्तरीय अधिकारी ई-पत्रिका




बीएलओ आपल्या वाठारांत मतदार माहिती स्लीप आनी मतदार मार्गदर्शिकेचें वांटप करता

चुनाव का पर्व
देश का गर्व
लोक सभा वैंचणूक 2024

Volume 11




भारत वेंचणूक आयोगाक खर प्रोटोकॉल आनी ताची वेंचणूक यंत्रणा राखून आनी तांकां पाळो दिवन वेंचणूक अखंडताय राखपांत खूब अभिमान दिसता.

चालू आशिल्ले सार्वत्रीक वेंचणूक 2024 चे फाटभुयेंचेर भारत वेंचणूक आयोग आनी राज्य वेंचणूक यंत्रणेन ही वेंचणूक खऱ्या अर्थान सर्वसमावेशक, सुलभ, आनी सहभागात्मक करपा खातीर सगळे तरेचे येत्न केल्यात.

हें व्हड कार्य समर्पीत परिसंस्थेचो एक सांघीक प्रयत्न आसा, जातूंत बूथ स्तरीय अधिकारी (बीएलओ) मुळाव्या पांवड्याचेर ईसीआयचे दूत म्हूण काम करतात, मतदारां कडेन संवाद सादतात, तांका गुंथून दवरतात आनी तांकां मजत करतात.

## संपादकीय समिती

एन.एन. बुटोलिया
वरिश्ठ प्रधान सचीव (मतदार वळेरी)

अशोक कुमार
संचालक (आयटी)

कुलदीप कुमार सहरावत,
(संचालक (प्रशिक्षण),
आयआयआयडीईएम

एस. सुंदर राजन
संचालक (ईव्हीएम)

दिपाली मसीरकर
संचालक (वेंचणूक नियोजन)

संतोष अजमेरा
संचालक (स्वीप) सदस्य संयोजक

## संपादकीय मंडळ

आर.के. सिंग
समन्वयक, स्वीप

अनूज चाण्डक
संयुक्त संचालक, मिडिया (स्वीप)

रजनी उपाध्याय
पत्राचार सल्लागार

फरहा अळवी
ग्राफिक डिझायनर

# मतदानाच्या दिसांनी बीएलओंची भुमिका

वेंचणुकेच्या काळांत बीएलओंची भुमिका आनी जापसालदारकी खूब पटींनी वाडटा. मतदानाच्या दिसा मतदारांची वेवस्था जावची आनी अखेरेक मतदारांची संख्या वाडची, हे खातीर तांणी आपलें कर्तव्य करचें पडटा. म्हत्वाच्या कर्तव्यांनी हाचो आसपाव आसताः

## बीएलओ कडेन अद्यावत मतदार वळेरी आसूंक जाय

अद्यावत मतदार वळेरी आसप हाचेर बीएलओची मुखेल भर आसूंक जाय. तांणी सगळ्या पात्र मतदारांचो वळेरेंत आसपाव केला हाची खात्री करूंक जाय. ते भायर बीएलओन मतदारांक मतदार वळेरेंतलीं नांवां तपासपा खातीर प्रोत्साहीत करूंक जाय. मतदार वळरेंत नांव सोदपा खातीर मतदाराक कशी मजत करप? मतदान करपा खातीर, मतदाराचें नांव मतदार वळेरेंत आसुंकूच आसा.

1. वोटर हॅल्पलायन एप वापरच
2. Voters.eci.gov.in
3. 1950 चेर एसएमएस धाडचो: ECI<space><EPIC NO>

# मतदार स्लिपीची वेवस्था आनी मतदार मार्गदर्शिकेचें वांटप




बीएलओची आनीक एक म्हत्वाची भुमिका म्हणल्यार मतदानाच्या दिसा पयलीं, मतदारांच्या घरा मतदार स्लिपींचें वांटप करप. मतदान केंद्राचें नांव, मतदान केंद्राचो प्रभाग आनी मतदानाच्या दिसाची तारीख अशा सगळ्या म्हत्वाचे माहितीची मतदाराक माहिती आसची, हाचे खातीर बीएलओंनी आपल्या भागांत 100 टक्के मतदार स्लिपीचें वांटप सुनिश्चीत करचें. मतदार स्लिप मतदारांक तांचें नांव मतदार वळेरेंत आशिल्ल्याची खात्री करता आनी ते मतदान करूंक शकतात. बीएलओन मतदानाच्या दिसा मतदारांक मतदान करपा खातीर प्रोत्साहीत करूंक जाय.

# मतदारांक मतदानाची प्रक्रिया, वळखपत्रां, आनी तांचीं मतां दिवपाची प्रक्रिया हांचे विशीं माहिती दिवपा खातीर बीएलओंनी हे संदीचो उपेग करुंक जाय.

## मतदानाची प्रक्रिया

मतदार रांकेंत उबो रावता



पयलो मतदान अधिकारी मतदार वळेरेंत तुमचें नांव आनी तुमचें वळखपत्र तपासता



दुसरो मतदान अधिकारी तुमच्या बोटाचेर अमीट शाय लायता, स्लीप दिता आनी तुमची निशाणी घेता.



तिसरो मतदान अधिकारी स्लीप घेता आनी तुमच्या बोटा वयली खूण तपासता.



मतदार ईव्हीएमा वयले ताचे पसंतीचो उमेदवार/ नोटा मुखा वयलो



## अमीट शाय

### तुमकां खबर आसा ?

- 1961 त सीएसआयआरची घटक प्रयोगशाळा आशिल्ल्या नॅशनल फिजिकल लॅबोरेटरी (एनपीएल), नवी दिल्ली हांणी अमीट शाय विकसीत केली आनी 1962 त म्हैसूर पेण्ट्स अँड वार्निश लिमिटेड (एमपीव्हीएल) (कर्नाटक सरकाराचो उपक्रम) हांकां परवानो दिल्लो.

- अमीट शाय हो एक अर्ध-स्थायी रंग आसा जी एकाधीक मतदान आडावपा खातीर मतदाराच्या दाव्या हाताच्या तर्जनी बोटार लायतात.

- वेंचणुकी मजगतीं व्यक्तींक एका परस चड फावटी मतदान करपा पासून आडावप हो ताच्या फाटलो उद्देश आसा, जाका लागून मतदान प्रक्रियेची अखंडताय आनी निष्पक्षताय राखूंक मजत जाता.

- हे खातीर सीएसआयआर-एनआरडीसी आनी एमपीव्हीएल हांचे मजगतीं शायेचें विशेश उत्पादन करपा खातीर कबलात जाली. तेन्ना सावन, एमपीव्हीएल हे भारत वेंचणूक आयोगा खातीर भारतांत अमीट शायेचें उत्पादन करपी एकमेव अधिकृत उत्पादक आसात.

# मतदाना खातीर मान्यताय प्राप्त वळख दस्तावेज/ आयडी पुरावे

- मतदार वळखपत्र (एपीक)
- आधार कार्ड
- युनिक डिझेबिलीटी आयडी (यूडीआयडी) कार्ड
- एनपीआर अंतर्गत आरजीआयन जारी केल्लें स्मार्ट कार्ड
- पॅन्शन दस्तावेज
- वाहन चालक परवानो
- सेवा वळख कार्ड
- पासपोर्ट
- बँक/ टपाल कार्यालयाचो पासबूक
- एमपी/एमएलए/एमएलसी हांणी जारी केल्लें अधिकृत वळखपत्र सेवा वळख कार्ड
- पॅन कार्ड
- सेवा वळख कार्ड
- भलायकी विमो स्मार्ट कार्ड (श्रम मंत्रालय)





## लोकसभा 2024 खातीरचे तयारींत स्वीप उपक्रम




## मतदार वेंचणुकेच्या पयल्या चार टप्प्यांनी तांचें मतदान करीत आसात



# बूथ स्तरीय सुविधांक चालना दिवप

भारत वेंचणूक आयोगान वेंचणुको खऱ्या अर्थान सर्वसमावेशक, सुलभ, आनी सहभागात्मक करपा खातीर सगळे तरेचे यत्न केल्यात. ईसीआय मार्गदर्शक तत्वां आनी मिशनाचो एक संदेशवाहक आनी सुविधा दिवपी म्हणून बीएलओ म्हत्वाची भुमिका निभयता. मतदारांक मतदान करपा खातीर व्हडा संख्येन मतदान केंद्राचेर येवंक आत्मविश्वास मेळूंक प्रोत्साहन दिवपा खातीर आनी तांकां कसल्योच आडमेळीं येवच्यो न्हय, हाचे खातीर बीएलओन दरेकी मतदान केंद्राचेर व्हडा प्रमाणान खात्रेच्या किमान सुविधांक प्रोत्साहन दिवंक जाय. मतदारांक सकयल दिल्ली माहिती दिवंक जायः



1. दरेकी मतदान केंद्र तळ-मजल्याचेरूच आसूंक जाय, आनी थंय पियपाचें उदक, प्रतिक्षालय, उदका सयत शौचालय, फावोसो उजवाड, दिव्यांग मतदारां खातीर रॅम्प, आनी स्टॅण्डर्ड वोटींग कम्पार्टमेंट्स हे सारकिल्ल्या खात्रीशीर किमान सुविधांचो आसपाव आसूंक जाय.



2. मतदान बरे तरेन जावपा खातीर सगळ्यो दिव्यांग व्यक्ती आनी ज्येश्ठ नागरिकांक आवश्यक दिव्यांगत्व विशेश वेवस्थे खातीर तांच्या थारावीक मतदान केंद्रांचेर वळखल्यात आनी टॅग केल्यात हाची बीएलओंनी खात्री करूंक जाय.



3. मतदान केंद्रांचेर वळखल्ल्या दिव्यांग आनी ज्येश्ठ नागरीक मतदारांक स्वयंसेवक मजत करतले अशें बीएलओंनी मतदारांक सूचीत करूंक जाय.



4. मतदानाच्या दिसा दरेकी मतदान केंद्राचेर दिव्यांग आनी ज्येश्ठ नागरिकां खातीर योग्य वाहतूक सुविधा आसता हाची मतदारांक माहिती आसूंक जाय.



5. बीएलओन माहिती दिल्ले प्रमाणें, दिव्यांग मतदार Saksham –ECI एपाचेर व्हीलचेर सुविधां खातीर मागणी करूंक शकतात.

बीएलओन मतदारांक (85 वर्सां वयले ज्येश्ठ नागरीक आनी बॅन्चमार्क प्रमाणपत्र आशिल्ले दिव्यांग) फॉर्म 12डी भरून ते होम वोटींग सुविधा (घरा कडेन रावून मतदान करप) आनी पोस्टल बॅलट सुविधेचो लाव घेवंक शकतात अशें सांगूंक जाय. आवश्यक सेवांनी काम करपी मतदार फॉर्म 12डी सादर करून पोस्टल बॅलट सुविधेचो लाव घेवंक शकतात.

## मतदान केंद्रांनी सहाय्या खातीर बीएलओ तयार



मतदार सहाय्य बूथाचेर बीएलओ



मतदान केंद्राचेर वैजकी सहाय्य उपलब्ध आसा.

मतदाराक गरजेचें आशिल्ले खंयचेय मजती खातीर आनी मतदारांक आप आपल्या मतदान केंद्राचेर येवकार दिवंक रावल्यात अशें दिसपा खातीर मतदानाच्या दिसा बीएलओ हॅल्प डॅस्काचेर उपलब्ध आसूंक जाय.

# डिजिटल क्रांती: वेंचणुकांच्या वेळार आयटी एप्लिकेशनांचो वापर करूंक प्रोत्साहन दिवप

फाटल्या कांय वर्सांनी, ईसीआयन मतदार नोंदणी खातीर डिजिटल प्रक्रिया आपणायल्या, जंय मतदार तांचे तपशील ऑनलायन तपासून अद्यावत करूंक शकतात. हाका लागून अचूक मतदार वळेर्यो सुनिश्चीत करून सुविधा आनी सहभाग वाडला. ईसीआयन मतदारांचे सोयी खातीर अशीं मोबायल एप्लिकेशनां सुरु केल्यांत, बीएलओन आप आपल्या वाठारांतले मतदार आनी सामान्य जनते मदीं हे एप्स लोकप्रिय करूंक जाय. लोकप्रिय मतदाराभिमुख एप्स सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसात:

## वोटर हॅल्पलायन एप

1. वन-स्टॉप सोल्यूशन एकाच प्लॅटफॉर्माचेर नोंदणी आनी वेंचणुके कडेन संबंदीत सेवा सोयीस्करपणान प्रदान करता.
2. माहितीपूर्ण निर्णय घेवपा खातीर तुमी वेंचणूक लडोवपी उमेदवारांचो तपशील सहजपणान तपासूंक शकता.

## cVIGIL एप

1. वापरकर्त्यांक आदर्श आचारसंहितेच्या (एमसीसी) उल्लंघनाची कागाळ करूंक दिता
2. नागरिकांक वेंचणूक प्रक्रियेंत वांटेकार जावपा खातीर व्यासपीठ उपलब्ध करता.
3. उल्लंघनाचें स्थान ट्रॅक करपा खातीर जीपीएस वापरता.
4. वापरकर्त्यांक फकत लायव्ह घडणुको कॅप्चर करूंक दिता.
5. कागाळीचे प्रगतीचो नियाळ घेता.
6. एमसीसी उल्लंघनाचें प्रकरण निनावीपणान नोंद करपाची सुविधा.

## तुमच्या उमेदवाराक जाणून

1. हाका लागून मतदारांक उमेदवारांक तांच्या नांवान सोदूंक येता.
2. हातूंत उमेदवाराची गुन्यांवकारी फाटभूंय आसल्यार ताची माहिती दाखयता.
3. हातूंत उमेदवारा आड दाखल केल्ल्या खंयच्याय फौजदारी खटल्यांच्या स्थितीची माहिती दिता.
4. उमेदवाराचेर ज्या गुन्यांवांचे आरोप जाल्यात, तांचें स्वरुप तातूंतल्यान दिसता.
5. हें Android आनी iOS अशा दोनूय प्लॅटफॉर्मांचेर उपलब्ध आसा.

## सक्षम-ईसीआय

1. नव्या दिव्यांग मतदार कार्डा खातीर अर्ज करचो.
2. स्वताक दिव्यांग व्यक्ती (पीडब्ल्यूडी) म्हणून चिन्नांकीत करचो.
3. गरज पडल्यार व्हीलचॅरा खातीर अर्ज करचो.
4. अॅक्सेसिबिलिटी खाशेलपणां अंतर्निहित आसात.

ईसीआयचे राष्ट्रीय आयकॉन



सचिन तेंडुलकर, क्रिकेट खेळगडो दिग्गज



राजकुमार राव, अभिनेतो

# आदर्श मतदान केंद्र आनी अद्वितीय मतदान केंद्र हातूंतलो फरक प्रामुख्यान तांच्या वैशिश्ट्यांनी आनी उद्दिश्टांनी आसा:

- वाठार, जिल्लो वा राज्याच्या खंयच्याय अद्वितीय वा लोकप्रिय पैलूंचेर उजवाड घालपा खातीर मॉडेल मतदान केंद्राची स्थापणूक करतात.
- मतदारांक मतदान केंद्रा कडेन आकर्शीत करपा खातीर आनी वेंचणूक प्रक्रियेक उत्सवी स्वरुप दिवपा खातीर आदर्श मतदान केंद्रां उबारल्यांत.
- मतदाराक येवकार दिवंक रावल्यात आनी म्हत्वाचें दिसचें हाचे खातीर आदर्श मतदान केंद्रांक फुलांच्यो माळो, बोमाडे वरवीं सजयतात.

**तुमकां खबर आशिल्लें?**

मनोरंजक तथ्यां



## अद्वितीय मतदान केंद्रः



- पयसुल्ले वा दुर्गम वाठार, बेटां, आदिवासी प्रदेश वा अद्वितीय जनसांख्यिकीय रचणूक आशिल्ल्या वाठारांनी अद्वितीय मतदान केंद्रांची स्थापणूक करुं येता.
- दरेकी पात्र मतदाराक ताचें स्थान वा परिस्थितीची पर्वा करिनासतना मतदान करुंक मेळचें हो अद्वितीय मतदान केंद्रां स्थापन करपाचो उद्देश आसा.
- अद्वितीय मतदान केंद्रांनी मतदान सुलभ करपा खातीर विशेश वेवस्था आनी लॉजिस्टिकल विचार करुं येता. जशें, वाहतूक सहाय्य, वाढीव मतदानाचीं वरां वा नाविन्यपूर्ण संप्रेषण पद्धती.

- अद्वितीय मतदान केंद्राचें वेगळेंपण भुगोलीक स्थान, इतिहासीक म्हत्व वा लॉजिस्टीक आव्हानां हे सारकिल्ल्या विविध घटकांक लागून जाता.

## अद्वितीय मतदान केंद्रः

# अद्वितीय मतदान केंद्राची अनुभूती

## दक्षीण अंदमान: डुगोंग क्रीक लिटल अंदमान
## एएनआई पीसी, 340-डुगोंग क्रीक लिटल



पीएस क्रमांक 340 हें डुगोंग क्रीक, लिटल अंदमान आयलॅण्ड हांगा आसा जो ओंगेसचो भाग आसा. ओंगे जमात फकत 100 वर्सां परस चड काळ हे संस्कृतीच्या संपर्कांत आसा. सुरवातेक ओंगे लोक लिटल अंदमानाचेर वेगवेगळ्या पट्ट्यांनी रावताले, पूण ते लिटल अंदमानांतल्या डुगोंग क्रीक आनी दक्षीण उपसागर ह्या दोन जाग्यांचेर रावूंक लागले. 2004 च्या त्सुनामी उपरांत, दक्षीण उपसागरांतले ओंगेस स्वेच्छेन लिटल अंदमानांतल्या डुगोंग खाडी हांगां स्थलांतरीत जाले. डुगोंग खाडी ओंगे जमाती खातीर खुबूच म्हत्वाची आसा, तिका खास करून असुरक्षीत आदिवासी गट (पीव्हीटीजी) म्हणून वर्गीकृत केल्या आनी तिका उच्च मानवशास्त्रीय म्हत्व आसा. दरेकी नागरिकाक मतदान करपाची संद मेळची, हे खातीर वेंचणूक यंत्रणा खर यत्न करता. मतदानाच्या दोन दीस पयलीं मतदान पंगड 68 मतदारांचीं मतां घेवंक ह्या जुंव्यार वता. लिटल अंदमान पावपाक जहाजांतल्यान स वरांचो लांब प्रवास करचो पडटा. उपरांत तो पंगड दुसऱ्या दिसा डुंगोंग खाडीक मतदान साहित्य घेवन एका डुंगीचेर (ल्हान बोट) भायर सरता. ओंगेस वसणुके मेरेन पावपाक दाट खाडींतल्यान वचूंक देड वर लागता. पक्ष रातभर एकाद्र्या जुंव्यार रावता आनी दुसऱ्या दिसा मतदान प्रक्रिया करता. दुर्गम आनी वेगळी सुवात आसून लेगीत ओंगे लोक, लोकशाय प्रक्रियेंत उमेदीन वांटो घेतात जाचें मूल्यांकन फाटले सार्वत्रीक वेंचणुकेंतल्यान करूं येता.




## मतदान केंद्रः सरकारी वरिश्ठ मुळावी शाळा, बित्रा, लक्षद्वीप

बित्राचें सरकारी सिनियर बेसिक स्कूल मतदान केंद्र लक्षद्वीपांतल्या वायव्ये कडल्या सगळ्यांत चड लोकवस्ती आशिल्ल्या बित्रा जुंव्याचेर आसा. ह्या जुंव्याची वट्ट लोकसंख्या 239 आसून वट्ट वेंचून काडपी लोकसंख्या 243 आसा. जिल्लो मुख्यालय, कवरत्ती सावन सुमार 125 किलोमीटर अंतराचेर आशिल्ल्या ह्या जुंव्याचेर पावपा खातीर जहाजांतल्यान सुमार 6 ते 8 वरांचो दर्यांतल्यान प्रवास करचो पडटा.

ह्या जुंव्यार जाल्ले 2019 वर्साचे सार्वत्रीक वेंचणुके वेळार, लक्षद्वीपाच्या वेंचणूक खात्यान वेंचणूक प्रक्रिया सुरळीत जावची हे खातीर म्हत्वाचे यत्न केले. हातूंत मतदान साहित्य आनी कर्मचाऱ्यांक बित्रा हांगा पयलींच व्हरपा खातीर खासा जहाज वेळापत्रकाची वेवस्था करप, तशेंच मतदान केल्लीं इलॅक्ट्रॉनीक मतदान यंत्रां (ईव्हीएम)/व्हीव्हीपॅट आनी हेर वैधानीक कागदपत्रां कावारट्टीक वेळार परत हाडपाची जतनाय घेवप हांचो आसपाव आशिल्लो.

लॉजिस्टिक आव्हानां आसून लेगीत, 2019 वर्साचे सार्वत्रीक वेंचणुके वेळार ह्या जुंव्यांचेर 94.50% प्रभावी मतदान जालें, जाका लागून थंयच्या रहिवाशांची लोकशाय प्रक्रियेंत वांटो घेवपाची बांधिलकी दाखयली.

## मुळाव्या स्तरा वयली कथा



म्हजें नांव मधुमाला आनी 18 वे लोकसभा वेंचणूक 2024 त 100 टक्के मतदान जाल्ल्या बूथ क्रमांक 86, बंजारु माले, दक्षीण कन्नड हांगाची बीएलओ जावपाचो म्हाका खूब अभिमान आसा.

मंगळुरा सावन 125 किमी. अंतराचेर आशिल्ल्या चर्माडी घाटांतल्या दाट रानांनी बंजारु माले वसलां. हो वाठार मनशाचे वसणुके खातीर प्रतिकूल आशिल्ल्यान बंजारु माले हें नांव मेळ्ळें अशें मानतात.



नेरिया ग्रामपंचायतींतल्या बंजारु माले हांगा मूळ आदिवासी समाज- मालेकुडींतले 111 मतदार (48 घरां) आसात. योग्य रस्ते आनी मोबायल जोडणी नाशिल्ल्यान आदिवासी वाडो शिमे भायर उरला. पयलेच फावटी, 2015 वर्सा बंजारु मालेंतल्या कम्युनिटी हॉलांत मतदान केंद्र उबारिल्लें. 2015 मेरेन रहिवासी आपल्या मताधिकाराचो वापर करपा खातीर सुमार 20 ते 25 किमी. प्रवास करताले.

हांव फाटल्या स वर्सां सावन बंजारु माले मतदान केंद्रांचेर बीएलओ म्हूण काम करता. हांवें वाड्यांतल्या सगल्या 48 घरांक भेट दिवन बंजारु माले मतदान केंद्राचेर 100 टक्के मतदान जावचें अशें आवाहन नागरिकांक केलां. तशेंच रहिवाशांची सदिच्छा मेळोवपा खातीर उत्सवांनी वांटो घेतलो. फाटल्या कांय वर्सां सावन बंजारु माले मतदान केंद्राचेर 100 टक्के मतदान मेळोवपा खातीर गांवकारांच्या सगल्या कागाळींचें बेगोबेग निवारण करपा खातीर हांव यत्न करतां.

मतदाना दिसा, म्हणल्यार 26 एप्रील 2024 दिसा सगल्या मतदारांनी (51 दादले आनी 60 बायल मतदारांनी) मतदानाचो वापर केलो, ताका लागून मतदान केंद्र 86 चेर 100 टक्के मतदान जालें.

वेंचणुकेच्या उत्सवांत बीएलओ म्हूण योगदान दिवन म्हाका आनंद आनी समाधान मेळटा.








भारत निर्वाचन आयोग
भारत वेंचणूक आयोग

चुनाव का पर्व
DESH KA GARV
LOK SABHA ELECTION 2024

# तुमी जाणकार मतदार आसात ?

तुमच्या मतदारसंघांतल्या दरेकी उमेदवाराचो तपशील तपासूंक तुमचो उमेदवार जाणून घेवचो (केवायसी) एप डावनलोड करचें.

जाणकार मतदार जायात!



केवायसी फिल्म पळोवपा खातीर QR कोड स्कॅन करचो

election24.eci.gov.in खातीर लॉगइन करचें

Android

iOS

आतांच केवायसी एप स्कॅन करून डावनलोड करचें!

मतदार हॅल्पलायन चेर कॉल करचें
1950

मतदार वळेरेंत तुमचें नांव तपासूंक आनी तुमच्या मतदारसंघांतली मतदानाची तारीख जाणून घेवंक QR कोड स्कॅन करचो

#IVoteForSure | #MeraVoteDeshKeLiye